31 May 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मध्य प्रदेशाच्या भोंवडेर, अहिल्या बाई होळकार हांच्या 300व्या जयंती निमतान, जावपी महासम्मेलनांत वांटो घेतले.

- किरकोळ दर उणे करपा खातीर केंद्रान कच्च्या पाम तेल, सोयाबीन तेल आनी सूर्यफूल तेलाचेर, मुळावो सीमा शुल्क 10 टक्के मेरेन उणो केला.

- अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी, अमेरिकन उद्देग धंद्यांची राखण करपा खातीर, स्टील आयातीचेर शुल्क 25 टक्क्यां वयल्यान, 50 टक्क्यां मेरेन दुपेटीन वाडयलां.

- आयपीएल क्रिकेटांत काल जाल्ले एलि-मिनेटर मॅचींत, गुजरात टायटन्साक 20 धांवड्यांनी हारोवन मुंबय इंडियन्सान, क्वालि-फायर दोनात आपली सुवात सुरक्षीत केली.

पीएम एमपी -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दीसभर मध्य प्रदेशाच्या भोंवडेर वतले. लोकमाता देवी अहिल्या बाई होळकार हांच्या 300व्या जयंती निमतान, प्रधानमंत्री मोदी भोपाळांतल्या लोकमाता देवी अहिल्याबाई महिला सशक्तकरण महासम्मेलनांत वांटो घेतले. तशेंच जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्याद घालतले. तशेंच प्रधानमंत्री दतिया आनी सतना विमानतळांचें उक्तावण करून, ह्या वाठारांत हवाई संपर्क वाडयतले. प्रधानमंत्री क्षिप्रा न्हंयचेर 860 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, घाट बांदकामांची लेगीत बुन्याद घालतले.

तेल दर -

किरकोळ दर उणे करपा खातीर केंद्रान कच्च्या पाम तेल, सोयाबीन तेल आनी सूर्यफूल तेलाचेर, मुळावो सीमा शुल्क 10 टक्के मेरेन उणो केला. रांदपाच्या तेलांचे किरकोळ दर उणे करप आनी देशांतर्गत प्रक्रिया करप्यांक राखण दिवप, हो हे फाटलो हेत आसा. हे संबंदीं काल अर्थ मंत्रालयान ताकतीकेंन प्रभावीपणान अधिसुचोवणी जारी केल्या.

ट्रम्प स्टील -

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी, अमेरिकन उद्देगधंद्यांची राखण करपा खातीर, स्टील आयातीचेर शुल्क 25 टक्क्यां वयल्यान, 50 टक्क्यां मेरेन दुपेटीन वाडयतले, अशें जाहीर केलां. पिट्स-बर्गांतल्या पेन्सिल-वेनियाच्या स्टील कामगारांकडेन उलयतना ट्रम्प हांणी सांगलें, कि अमेरिकेचो फुडार पिट्स-बर्गाच्या बळग्यान आनी अभिमानान बांदपाक जाय, शांघायच्या स्टीलान न्हय. उपरांत, आपल्या ट्रूथ  मध्यमाचेर केल्ल्या पोस्टांत, तांणी सांगलें की, ॲल्युमिनियमाचे दर लेगीत दुपेटीन वाडून, 50 टक्क्यां मेरेन पावतले आनी दोनूय दर वाड बुधवारा लागू जातली. निप्पोनांतल्यान, 9.2 अब्ज डॉलर गुंतवणूक केल्ल्यान, अमेरिकेच्या स्टिलाक चालना मेळटली आनी एक लाख नोकऱ्यो वाचतल्यो , अशें ट्रम्प हांणी सांगलें.

पीएम कानपुर बाईट  -100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल उत्तर प्रदेशांतल्या कानपूरांत, 47 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयलो. कानपूर मेट्रोच्या नव्या कॉरिडोराक ताणें पंचवो बावटो दाखयलो . ह्यावेळार उलयताना तणी महळा, कि

आतंकवादा आड भारताचे झुज सदाच चालू उरतले आनी ते  केन्नाच थांबचे ना, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. तशेंच ऑपरेशन सिंदूरा वेळार सशस्त्र

दळांच्या शौर्य आनी धैर्याची तांणी तोखणाय केली. हाचे आदीं ताणी बिहाराच्या कारकटांत 48 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी काय प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित केले . एनडीए सरकार बिहाराचे उदरगतीखातीर सेगीत यत्न करता, अशे तांणी सांगले.

**BREAK**

ऑल पक्ष प्रतिनिधीत्व -

आतंकवाद ना करपा खातीर, भारताच्या खर समर्पणाचे प्रदर्शन करताना, सात बहुपक्षीय संसदीय प्रतिनिधी मंडळांना, परदेशांतल्या अधिकृत भेटी वेळार, उंचेल्या पांवड्यावेली चर्चा केली. काँग्रेसीचे खासदार शशी थरूर हांच्या फुडारपणा खाला सध्या कोलंबियाक भेट दिवपी, सर्वपक्षीय शिश्टमंडळान कोलंबियाची परराश्ट्र उपमंत्री रोझा योलांडा विला-व्हिसे-न्सिओ आनी आशिया-पॅसिफिकांत वेव्हार करपी वरिश्ठ सहकाऱ्यांची भेट घेतली.

अमित शाह बाईट -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी काल जमू काश्मीरांतल्या पुंछ वाठाराक भेट दिली. तांणी ऑपरेशन सिंदूर वेळार पाकिस्तानान केल्या फारपेटात, काश्मीरांत शिमेवयल्या वाठारांनी मालमत्तेचें आनी धर्मीक थळांचें लुकसाणीचे प्रत्यक्ष मुल्यांकन केलें. तशेच पीडित कुटुंबांची भेट घेवून तांचेखातीर, खाशेलें रिलीफ पॅकेज जाहीर केलें आनी फारफेटात मरण आयिल्ल्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांक नेमणूक पत्रां भेटयटलीं. ह्यावेळार तणी सांगले, कि

(byets 22 sec ).

तशेंच 3 जुलय सावन सुरू जावपी वर्सुकी अमरनाथ यात्रे खातीर, सुरक्षा आनी हेर वेवस्थेचोय नियाळ केंद्रीय गृह मंत्र्यांनी ह्यावेळार घेतलो.

आशियाई एथलेटिक्स - 140

आशियाई एथलेटिक्स चॅम्पियनशिपांत भारताचो दीस शानदार थारलो. गुलवीर सिंगान आपलें दुसरें भांगरा पदक जिखून, देशांतली पदकांची संख्या आघाडीचेर व्हेली. गुलवीरान दादल्यांच्या 5000 मीटर सर्तीत, चॅम्पियनशिप विक्रमी वेळान जिखून, 2015 वर्सा केल्लो आदलो विक्रम मोडलो. हाचे आदीं ताणें पयल्या दिसा 10 हजार मीटर सरतीत, भांगरा पदक जिकिल्ले. बायलांच्या उंच उडींत 18 वर्सां पिरायेची पूजान, सगळ्यांत बरी काममिरी करून 1.89 मीटर धावप करून भांगरा पदक जिखले. आनी आपलो स्वताचो राष्ट्रीय 20 वर्सां सकयलो विक्रम मोडून, आशियाई चॅम्पियनशिपांत ती, ह्या सर्तींत पदक जिखपी दुसरी भारतीय थारली. नंदिनी आग-सारान बायलांच्या हेप्टाथलॉन सर्तीत, 5 हजार 941 गूण मेळोवन जिखून, त्या दिसा तिसरें भांगरा पदक मेळयलें. मजगतीं, पारुल चौधरीन बायलांच्या 3000 मीटर स्टीपल-चेसांत, नवो राष्ट्रीय विक्रम करून रुप्या पदक जिखले. तर अनिमेश कुजुरान दादल्यांच्या 200 मीटर सर्तींच्या फायनलींत प्रवेश केलो. सध्या भारत पदक कोश्टकांत 8 भांगरा, सात रुप्या आनी 3 कांस्य पदकां सयत, 18 पदकां मेळोवन, दुसरे सुवातेर आसा.

आयपीएल - 80

आयपीएल क्रिकेटांत चंडीगढांतल्या, महाराजा यादविंदर सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांर, काल जाल्ले एलिमिनेटर मॅचींत, गुजरात टायटन्साक 20 धांवड्यांनी हारोवन मुंबय इंडियन्सान, क्वालिफायर दोनात आपली सुवात सुरक्षीत केली. पयली फलंदाजी करपी मुंबय इंडियन्सान, निर्धारित २० षटकांत ५ बाद २२८ धांवड्यो केल्यो. ताका जाप दितना, गुजरात टायटन्सान ६ बाद, २०८ धांवड्यो केल्यो. पूण लक्ष्या परस 20 धांवड्यो कमी पडल्यो. ह्या जैताक लागून मुंबय इंडियन्सान, क्वालिफायर दोनात प्रवेश केला आनी विक्रमी सातव्या आयपीएल जेते पदाची आस्त, जिवी दवरल्या.

आयएमडी हवामान - 120

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या 2-3 दिसांत देशांतल्या उदेंत, अस्तंत, मध्य आनी ईशान्य वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. उप-हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, आसाम, मेघालय, अरुणाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरा वाठारांत सोमारा मेरेन व्हड प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीन सांगलें. असोच पावस कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण आनी गोंयात, फाल्यां मेरेन.पडपाचो अदमास आसा. तशेंच फाल्यां मेरेन विदर्भा, छत्तीसगढ, झारखंड, ओडिशा, मध्य प्रदेश, बिहार ह्या सुवातींनी गडगड सयत मध्यम पावस पडपाचो अदमास आयएमडीन आसा. फुडल्या 24 वरांत, देशाच्या वायव्य वाठारांत चडांत चड तापमान, सुमार 2-3 अंश सेल्सियस देंवपाचो अदमास आसा. मजगतीं, आयएमडीन राष्ट्रीय राजधानी आनी ताच्या काय वाठारांत आय,ज गडगड वांगडा पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. उण्यांत उणें तापमान 28° सेल्सियस आनी चडांत चड तापमान 37° सेल्सियस इतले आसतले.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मध्य प्रदेशाच्या भोंवडेर, अहिल्या बाई होळकार हांच्या 300व्या जयंती निमतान, जावपी महासम्मेलनांत वांटो घेतले.

- किरकोळ दर उणे करपा खातीर केंद्रान कच्च्या पाम तेल, सोयाबीन तेल आनी सूर्यफूल तेलाचेर, मुळावो सीमा शुल्क 10 टक्के मेरेन उणो केला.

- अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी, अमेरिकन उद्देग धंद्यांची राखण करपा खातीर, स्टील आयातीचेर शुल्क 25 टक्क्यां वयल्यान, 50 टक्क्यां मेरेन दुपेटीन वाडयलां.

- आयपीएल क्रिकेटांत काल जाल्ले एलि-मिनेटर मॅचींत, गुजरात टायटन्साक 20 धांवड्यांनी हारोवन मुंबय इंडियन्सान, क्वालि-फायर दोनात आपली सुवात सुरक्षीत केली.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार